# राज्य युवा संसद कार्यक्रमाचे उक्तावण

ता. 9 फेब्रूवारी 2018

20 माघ 1939

गोंयात पयलेच फावट आयोजित राज्य युवा संसद कार्यक्रमाचे आयज पणजे उक्तावण जाले. गोंय विधानसभेचे सभापती डॉ. प्रमोद सावंत, विधानसभा वेव्हारमंत्री श्री. फ्रान्सिस डिसौझा, आमदार श्री. प्रसाद गावकर, विधानसभा सचिव श्री.एन.बी.सुभेदार आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक हजर आशिल्ले.

हयावेळार उलयताना डॉ. सावंत हांणी म्हणले,तरणाटया पिरायेचेर सभापती जातलो म्हुण हांवे केन्नाच चितूक नाशिल्ले. जेन्ना म्हजेर ही जबाबदारी दिली तेन्ना हांवे एक मोठी जबाबदारी म्हुण हो सन्मान स्वीकारलो.

डॉ. सावंत हांणी फुडे म्हणले, हांव पळयता, गोंयचे युवक कितले हुशार आसात ते. पूण तांणी सामाजिक-राजकीय मळार काम करपाक फुडें येवपाक जाय. तशेंच गोंयच्या तरणाटयांनी आपली भलायकी आनी कॅरियराचेर लक्ष दिवपाक जाय, समाजाखातीर योगदान दितले जाल्यार हयो दोन गजाली म्हत्वाच्यो आसात, खुपशे तरणाटे आपल्या भलायकीकडेन दुर्लक्ष करतात. साबार अपघातानी युवकाचो आस्पाव पळयत जाल्यार अशें दिसून येता. युवकांनी समाज आनी देशाची सेवा करपाखातीर आपले करियर घडोवपाची गरज आसा, अशेंय तांणी सांगले.

विधानसभा वेव्हारमंत्री श्री. फ्रान्सिस डिसौझा हांणी म्हणले, संविधान ही संसदेची बुन्याद आसा. लोकशाय प्रशासन वेवस्था ही उत्कृश्ट आनी लोकांची आसता. लोकशाय सरकारात संघटीत नेतृत्वाचो आस्पाव आसता. संसदेत तशेंच वैयक्तीक जीणेत शिस्त ही म्हत्वाची आसा. जीणेत नियम, कायदे पाळपाक जाय नाजाल्यार जीणेत समस्या निर्माण जातात. आमच्या समाजात कांय समस्या आसात, पूण योग्य चर्चा करून आनी निर्णय घेवन त्यो सोडोवपाक जाय, अशेंय तांणी सांगले.

आमदार श्री. प्रसाद गावकार हांच्या अध्यक्षतेखाला सामाजिक-राजकीय मळार युवकांचो सहभाग हया विशयाचेर चर्चासत्र जाले.

सुरवेक श्री.एन.बी.सुभेदार हांणी येवकाराच्या उलोवपात आदर्श भारत निर्माण करपाखातीर युवकांनी देशाचे फुडारपण करपाक फुडें येवपाची गरज उक्तायली.